national news 15.08.2025 @ 8.40 am

पुराय देशभरात पातळला खोशयेचे ल्हार. देश आज मनयता ७९ वो स्वतंत्रता दिस

प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हाणी लाल किल्यावेल्यान हुबयलो राष्ट्र ध्वज. भारत माता की जयच्या घोषणांनी दिली देशाक मानवंदना

अमृत काल मजगती देश मुखार सरता आणि प्रत्येक नागरिक त्यांच्या क्षमते प्रमाण सर्वोत्तम योगदान दिता अशे राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हानी म्हणला

भारत 50

आयज देश 79वो स्वातंत्र्य दीस मनयता. दिल्लींत जावपी प्रतिष्ठित लाल किल्यावेल्यान ह्या उत्सवाचें फुडारपण प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी केले. ह्या प्रतिष्ठित स्मारकाचेर राश्ट्रीय ध्वज ताणी हुबयलो आनी राष्ट्राक संबोधीत केले. 2047 मेरेन विकसीत भारताचें सरकाराचें सपन साकार करपाचे दिकेन देश व्हड प्रगती करत आसतना ह्या वर्साच्या उत्सवाचो मथाळो नवो भारत आसा. मेरे प्यारे देशवासीयो ह्या वाक्यांन सुरु केल्या प्रधान मंत्र्याच्या उलोव्पाक लोकांनी टाळ्याच्या कडकडाटान येवकार दिलो. स्वतंत्रतायेचे हे पर्व 140 कोटी लोकच्या संकल्पचो उत्सव अशे ताणी म्हणले. महात्मा गांधी राजेंद्र प्रसाद सर्वपल्ली राधाकृष्णन जवाहरलाल नेहरू आणि अशा महान फुडार्यामदी बाय्लांच्या योग्दनाकुय तानी अभिवादन केले. एक देश एक संविधान जेंना आमी आपणाय्ले, कलम ३७० कडून उडय्ले ही डो. शामा प्रसाद मुखर्जी हांका खरी श्रद्धांजली अशे ताणी म्हणले. सैमिक आपत्ती आमी झेलतात पून सगळे पुराय शक्तीन ताचे आड झुज्तात अशे ते उलय्ले. ऑपरेशन सिंदुराच्या सैनिकाक ह्या लाल किल्या वेल्यान मान वंदना दितना खूप खोस भोगता. आमच्या सैन्यान दुस्मान आतंकवाद्याच्या शिमेत घुसून तांका बुद्ध शिकयली अशे प्रधान मंत्र्यांनी म्हनटाच लोकानी घोषणा दित टाळ्याचो कडकडाट केलो. BTE SINDUR

भारतीय सेनेक जें जशे जाय तशे थारावन ताणी ते प्रमाण राष्ट्रहिता खातीर वागचे अशे प्रधानमंत्र्यानी म्हणले आणि भारताच्या उद्‌काचेर फक्त आणि फक्त भारताचो आणि भारतीय शेतकरचो हक्क आसा देखून देशाकडे कसलीच तडजोड मान्य ना अशे ताणी सांगले. ज्या ज्या देशांनी नवे तंत्रन्यान आपणायले ते उंचायेर पावले. 50- 60 वर्सा आदी सेमी कनडकटर विशी कायच हालचाल जाली ना पुन आता देशात 6 वेगवेगळे युनिट्स आय्ल्यात, सोलर एनर्जी 30 पटीन वाढल्या, भारत मिशन ग्रीनात न्युक्लीयर एनर्जी ह्या वाठारात मुखार सरता. संसार जागतिक तापमान वाडीविशी चिंतीत असताना भारतान क्लीन एनर्जीची मोख खूप आदीच साध्य केल्या अशे ताणी सांगळे byte क्लीन

आमी आता आत्मनिर्भर जाव्पाच्या वाटेर आसा, उर्जा स्वावलंबी जाव्पाक, आमि मुखार सरतात अशे ताणी म्हणले byte सेमी

group कॅप्टन शुभांषु शुक्ला हांच्या सारक्यानी आणि ३०० परस startups देशाचे तरनातटे देशाक विकसित करपाक वावूरतात अशे ते उलय्ले. ह्या सगळ्या कामाक लोकांचो आधार जाय अशे आवाहन ताणी केले. Byte न्युक्ली

UPI, सोशल मीडियाची ताकद आणि ते वापरपि तरणट्याचेर पुराय विश्वास ताणी उक्तयलो आणि शेतांक लाग्पी खता निर्माण करून आत्म निरभर जाव्पाक वावूरपाचो उलो ताणी मारलो. मुद्रा रीणा वरवि लोक स्वत आत्म निरभर जावून दुसर्यांकुय करता, विदेशी खेळन्या वाट्याचे देशात खेळणी जावची हे म्हण्ल्या बरोबर देशात ती तयार जाली हे आत्म निरभराचे पावल . सरकार आणि हाव सदाच तुमचे वांगडा आसा अशे उतर ताणी दिले. कोटी कोटी भारतीयाच्या बलिदानान स्वतंत्र भारत जालो तशेच कोटी कोटी भारतीयाच्या ताकतीन समृद्ध भारत करपाचे आवाहन ताणी केले. प्रधानमंत्री विकसीत भारत रोजगार योजना आज्च्यान सुरु जाता अशी घोषणा ताणी केली. Byte रोजगार

वाढत्या अर्थ वेव्स्थेक योगदान दिव्पाक खेळ मैदानाचेर, देशाक विकसित करपाक नारी शक्ती, आमच्या धुवाचे योग्दानाची ताणी तोखनाय केली. Byte मुद्रा

विकसीत भारत करपाक आमी थांब्चे ना झुक्चे ना, सगळ्या गुलामी पासत आमी मुक्ती मेळ्यतले, नव्या संधीची निर्माण करत वाड करत रावतले आणि परिश्रम करत इतिहास रचयतले आणि वेळेक वळ्पाक होच वेळ अशे म्हणून परत एकदा ताणी सग्ल्याक भारत मत कि जय आनी जयहिंद आणि वंदे मातरम अशो घोषना दिल्यो  आनी आपले उलोवप सोप्य्ले

मुर्मू 180

राष्ट्रपती मुर्मू यांनी पहलगाम दहशतवादी हल्ल्यात निष्पाप नागरिकांची हत्या भ्याड आणि पुरायपणान अमानवीय आशिल्याचे म्हणले. त्यांनी सांगले की, भारतान ऑपरेशन सिंदूर सुरू करून निर्णायक पद्धतीन आणि दृढनिश्चयान प्रत्युत्तर दिले ज्याकालागुन देशाचे सशस्त्र दल कसल्याय परिस्थितीक तोंड दिवपाक तयार आसात हे दिसून आयले. धोरणात्मक स्पष्टता आणि तांत्रिक क्षमतेन सीमेपलतडी दहशतवादी केंद्रा नष्ट केल्याबद्दल राष्ट्रपती मुर्मू यांनी सशस्त्र दलांचे कौतुक केले. त्यांनी ऑपरेशन सिंदूरचे कौतुक केले आणि म्हटले की, दहशतवादाविरुद्ध मानवतेच्या लढाईत हे एक उदाहरण म्हणून इतिहासात नोंद जातले byte सिदूर

राष्ट्रपतींनी अधोरेखित केले की भारतात जगातली सगळ्यात पोरणी प्रजासत्ताक आसात आणि तीची लोकशाहीची जननी म्हणून योग्यरित्या ओळख आसा. ताणी म्हणले की देशान लोकशाही संस्था निर्माण केल्या ज्याका लागुन लोकशाहीची प्रथा बळकट जाली. राष्ट्रपती मुर्मू यांनी सगळ्यांक पर्यावरणाचे रक्षण करपाक पावला उखलपाचे आवाहन केले.

अवार्ड्स 110

स्वातंत्र्य दिसाच्या पूर्वसंध्येक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू यांनी सशस्त्र दल आणि केंद्रीय सशस्त्र पोलिस दलातल्या कर्मचाऱ्यांक १२७ शौर्य पुरस्कार आणि ४० विशिष्ट सेवा पुरस्कारांक मंजुरी दिली

हातुंत ४ कीर्ती चक्र, १५ वीर चक्र, १६ शौर्य चक्र, २ बार टू सेना पदका, ५८ सेना पदका  ६ नव सेना पदका, २६ वायु सेना पदका, ७ सर्वोत्तम झुज सेवा पदका आणि ९ उत्तम झुजसेवा पदके आणि २४ युद्ध सेवा पदका आसपावता. राष्ट्रपतींनी २९० मेन्शन-इन-डिस्पॅचनाकय मंजुरी दिली. हातुंत भारतीय लष्कराचे ११५, भारतीय नौदलाचे ५, भारतीय हवाई दलाचे १६७ आणि सीमा रस्ते विकास मंडळाचे ३ कर्मचारी यां चो समावेश आसा. राष्ट्रपती मुर्मू यांनी ५ भारतीय तटरक्षक दलाच्या कर्मचाऱ्यांक तत्ररक्षक पदकाय  मंजूर केल्या. ही पदका त्यांच्या उल्लेखनीय शौर्य, कर्तव्याप्रती असाधारण समर्पण आणि गुणवंत सेवेच्या कृत्यांखातीर दितात.

राजनाथ 80

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह यांनी म्हणला की, जगभरातल्या असमित झुजाच्या फाट भुयेर सशस्त्र दलांनी चलयले ऑपरेशन सिंदूर हे एक संतुलित लष्करी प्रतिसाद म्हणून उदेला .

byte

स्पोर्ट्स 15

एथलेटिक्सांत इझ्राएलांत जाल्ल्या ग्रॅण्ड स्लॅम जेरुसलेम 2025 सर्तींत बायलांच्या 2000 मीटर स्टीपलचेस सर्तींत भारताची अंकिता ध्यानान जैत मेळयलें.

चेस 20

बुद्धिबळात, जर्मन ग्रॅंडमास्टर व्हिन्सेंट कीमरान एक फेरी बाकी असताना क्वांटबॉक्स चेन्नई ग्रॅंड मास्टर्स २०२५ जिंकल, ज्याका लागून तो या स्पर्धेच्या इतिहासातलो पयलो  एकमेव विजेता थारला.

Imd 20

हवामान खात्यान 17 ऑगस्ट मेरेन सतत पावस पडपाचो अदमास दीला. चंबा, कांगडा मंडी आणि शिमला हांगा व्हड ते सामको दडकानी पावस पडपा खातीर ओरेंज अलर्ट जारी केला